# आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग व्यक्ती दीस मनयलो

ता. 7 जानेवारी 2026

गोंय सरकारचे दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण संचालनालय आनी राज्य दिव्यांग व्यक्तीं आयुक्त कार्यालयान संजय विशेश शिक्षण केंद्रात "जीवन सक्षमीकरण, हक्कांची खात्री" ह्या संकल्पनेचेर आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग व्यक्ती दीस मनयलो.

ह्या कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण मंत्री श्री सुभाष फळ देसाय उपस्थित आसिल्लें. तशेंच राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर; दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण खात्याचे सचीव श्री प्रसन्न आचार्य; दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण खात्याच्यो संचालक श्रीमती वर्षा नाईक; राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त विभागाचे सचीव श्री ताहा हाझिक आनी संजय विशेश शिक्षण केंद्राच्यो वांगडी सचीव श्रीमती नीतल आमोणकर आनी हेर मानेस्त कार्यावळीक उपस्थित आशिल्लें.

ह्या कार्यावळीचो एक भाग म्हूण मुख्यमंत्री करंडक जैतिवंत गोंयच्या व्हीलचेअर क्रिकेट पंगडाचो तांच्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर मंत्र्याहस्तुकीं सन्मान केलो.

आंतरराष्ट्रीय दिव्यांग दिसा निमतान विशेश शाळांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर पोस्टर मेकींग, रेखाचित्र, प्रश्नमंजुषा, दृश्य कला अशां विवीध सर्तीं आयोजीत केल्ल्यो. विद्यार्थ्यांमदल्या सर्जनशील कलेक प्रोत्साहन दिवप हो उपक्रमाचा उद्देश आशिल्लो. सर्तींच्या जैतिवंत विद्यार्थ्यांक मानेस्तांच्या हस्तुकीं इनामां भेटयली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/25

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.